प्रादेशिक खबरो

०४-०८-२०२५ सकाळी : ७.२५

“आयुर्वेद आहरा

भारतीय अन्न सुरक्षा आनी मानक प्राधिकरणान आयुष मंत्रालयाच्या सल्ल्यान “आयुर्वेद आहरा” ह्या वर्गा खाला आयुर्वेदीक अन्न तयार करपाची एक निश्र्चीत वळेरी जाहीर केल्या. 2022 वर्सा अन्न सुरक्षीतताय आनी मानक (आयुर्वेद आहारा) नियमन सुरू जाले उपरांत.ह्या नेमांक लागून अधिकृत आयुर्वेदीक ग्रंथांतल्यान पाककृती, घटक आनी प्रक्रिया हांचेर आदारीत खाणां-जेवणांक मान्यताय मेळ्ळ्या आनी नवी वळेरी गिरायकांक आनी वेवसायांक अपूर्व स्पश्टताय आनी आत्मविस्वास हाडटा. नेमाच्या अनुसुची ब च्या टिप (1) खाला जारी केल्ली ही वळेरी अनुसुची अ त दिल्ल्या शास्त्रीय आयुर्वेदीक ग्रंथांतल्यान थेट घेतल्या, जाका लागून ह्या अन्न सुत्रांची प्रामाणीकता आनी पारंपारीक आदार सुनिश्चीत जाता. आयुष मंत्रालयाचे राज्य मंत्री (आयसी) आनी भलायकी तशेच कुटुंब कल्याण मंत्रालयाचे राज्य मंत्री प्रताप्राव जाधव हांणी नागरिकांनी आयुर्वेद आहाराचो दीर्घकाळ भलायकेचे फायदे अणभवपा खातीर तांच्या दिसपट्ट्या जिणेंत आस्पाव करचो असो उलो मारला. वेळान चांचणी केल्लीं ह्यो आहार पद्दती फकत कुडीक पोशण दितात अशें न्हय तर रोगप्रतिकार शक्त घटमूट करतात, पचनक्रियाक आदार दितात आनी एकंदर बरेपणाक चालना दितात अशें तांणी भर दिलो.

स्मार्टफोन निर्यात - १३०

२०२५-२६ या आर्थिक वर्साच्या पहिल्या तिमाहीत भारताच्या स्मार्टफोन निर्यातीत विक्रमी उच्चांक पार केला. फाटल्या वर्साच्या  तुळेत ती ५८ टक्क्यांनी वाढून ७.७२ अब्ज डॉलर्साचेर पावल्या. मेळील्ल्या म्हायतीप्रमाण, ह्या वाडीत सगळ्यात व्हड वाटो हो अॅपल कंपनीचो आसा.  अॅपल कंपनीन कंत्राटी उत्पादकांवरवी स अब्ज डॉलर्स किमतीचे आयफोन निर्यात केल्यात. फाटल्या वर्सापरस ही टक्केवारी ८२ टक्क्यानी चड आसा. ह्या तिमाहीत एकूण स्मार्टफोन निर्यातीत सुमारे ७८ टक्के वाटो हो तंत्रगिज्ञान क्षेत्रातल्या दिग्गज कंपनीचो आसा.

२०२१ या आर्थिक वर्सात भारतान तीन अब्ज १० दशलक्ष डॉलर्स किमतीचे स्मार्टफोन निर्यात केले. २०२५ मेरेन हो आकडो २४ अब्ज १० दशलक्ष डॉलर्समेरेन वाडलो, तातूंत अॅपलचे १७.५ अब्ज डॉलर्सचे योगदान आसा. हेर मुखेल निर्यातदारांमदी डिक्सन टेक्नॉलॉजीजची उपकंपनी पॅजेट इलेक्ट्रॉनिक्सचो आस्पाव आसा  तांणी १७५ दशलक्ष डॉलर्स किमतीचे स्मार्टफोन निर्यात केले तर स्मार्टफोन निर्यातीत सॅमसंगचा एकूण वाटो १२ टक्के आशिल्लो.

रोटरी क्लब

दिवचल रोटरी क्लब काम करीत आसा आनि हेच भावनेन त्यांचे योगदान समाजातल्या तळगातल्या लोकांमेरेन पावले आसा. हेर समाजसेवी संस्थांनी रोटरी

क्लबाचो आदर्श नजरेसमोर दवरुन  समाजकार्य करचे असो उलो दिवचल नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री विजयकुमार नाटेकर हाणीं मारला.दिवचल रोटरी क्लब हाणीं दिवचल वाटारातल्या गरजू अशा 25 लोकांक आर्थिक पालक दितना रेनकोट  वाटप केले .हे वेळार नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर ,सुधीन नाईक आनि अभिजीत तेली हे  मानेस्त हजर आशिल्ले.

पत्रकार मित्र पुरस्कार -

लोकमान्य टिळकांच्या पुण्यतिथी निमतान सांगे केपे पत्रकार संघान आपलो ४२को वर्सुकी दिस व्हडा उमेदीन मनयलो. ही कार्यावळ कुडचडेच्या सर्वोदय हायस्कुलाच्या सभाघरात जाली. कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हूण समाज कल्याण मंत्री सुभाश फळदेसाय हाजीर आशिल्ले. जाल्यार आमदार निलेश काब्राल हे मानाचे सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले. कार्यावळीक खाशेले आकर्शण आशिल्ले ते सांगे केपे पत्रकार संघाच्या वतीन वर्सुकी परंपरेन भेटयतात तो नामनेचो ‘पत्रकार मित्र’ हो पुरस्कार अंदू वर्सा हो नामनेचो पत्रकार मित्र पुरस्कार माहिती आनी प्रसारण खात्याचे पालवी माहिती अधिकारी तशेच लेखक, पत्रकार , कलाकार शाम गावकार हांका घोशीत जालो.

मुखेल सोय-यांच्या हस्तुकी शाम गावकार हांका पत्रकार मित्र पुरस्कार भेटोवन भोवमानीत केले.

## हवामान

गोंयात फावोशे वातावरण नाशिल्ल्या मान्सून दुबळो जाला. हाका लागून हवामान खात्यान ८ ऑगस्ट मेरेन गोंयात तुरळक पावसाची शक्यताय उक्तायला. ह्या दिसांखातीर पावसाखातीर कसलोच एलर्ट जारी करुंक ना.

## क्रिकेट

भारत आनी इंग्लंड पंगडामदी  ओव्हलात चलतल्या अँडरसन तेंडुलकर ट्रॉफी खेळामाळेतल्या पाचव्या आनी निमण्या कस लावपी क्रिकेट खेळात इंग्लंड पंगडाक ३५ धावंड्याची गरज आसा. पाचव्या आनी नीमण्या खेळाचो निकाल आयज पाचव्या दिसा लागतलो. उजवाडाची कमतरताय आनी पावसाक लागून काल चौथ्या दिसाचो खेळ बेगिन सोपलो.

इतले मजगती इंग्लंड पंगडान ह्या खेळावेली  आपली पकड घटमूट केल्या. इंग्लंडच्या हॅरी ब्रूक आनी जो रूट हांणी बेसबरो खेळ करताना शेकडे मारले. कालच्या दिसाचो खेळ सोपलो तेन्ना इंग्लंड पंगडान ६ बाद ३३९ धावंड्यो  केल्ल्यो.